०२.०२.२०२५ सकाळी 8.४०

# आकाशवाणी पणजी, प्रादेशिक खबरा विभाग - राष्ट्रीय खबरो

## मुखेल खबरो

देशातली पयली वंदे भारत स्लीपर ट्रेन रोखडीच गुवाहाटी आणि कोलकाता मजगती धावतली अशे नवी दिल्लीत पत्रकार परिषदेत उल्यताना रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी येत्या १५ ते २० दिसांत या ट्रेनीचे उक्तावण करतले

भारतीय राष्ट्रीय म्हामार्ग प्राधिकरणान फुडल्या म्हयन्याच्या 1 तारखे सावन लागू जावपी सगळ्या नव्या FASTag जारी करपा खातीर गाडयां खातीर Know Your Vehicle (KYV) कार्डां बंद करपाची घोशणा केल्या.

घरगुती गिरायकां खातीर देशांतल्या एलपीजीच्या दरांत बदल जावंक ना अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान स्पश्ट केलां.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाक लागून भारतान जायत्या देशांक फाटीं घाला अशें केंद्रीय कोळसो खण मंत्री जी. किशन रेड्डी हाणीकाल हैदराबादांत घेतिल्ले बस्ती भेटींत उलयतना सांगले.

कृत्रिम बुद्धिमत्ता ही फक्त तंत्रज्ञान न्हय तर देशात सकारात्मक बदल घडोवन हाडपाची संधी आसा अशे राष्ट्रपती भवनात SOAR-Skilling for AI Readiness अंतर्गत आयोजित विशेष कार्यक्रमात राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हणाले.

उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन आयज सावन दोन दिसांच्या तमिळनाडू भेटर आसतले.

देशातली पयली वंदे भारत स्लीपर ट्रेन रोखडीच गुवाहाटी आणि कोलकाता मजगती धावतली अशे नवी दिल्लीत पत्रकार परिषदेत उल्यताना रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी येत्या १५ ते २० दिसांत या ट्रेनीचे उक्तावण करतले अशे सांगुन भारतीय रेल्वेन स्वदेशी पद्धतीन तयार केल्या आणि निर्मित वंदे भारत स्लीपर ट्रेनची अंतिम हाय-स्पीड चाचणी यशस्वीरित्या पूराय केल्या अशे वैष्णव उलयले. रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी भारताक पयली बुलेट ट्रेन 15 ऑगस्ट 2027 दिसा मेळपाची शक्यताय आसा अशें जाहीर केलें. काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमाकडेन उलायाताना विचारिल्ल्या प्रस्नाक जाप दितना श्री वैष्णव हांणी अहमदाबाद आनी मुंबय हांचे मदीं भारताची पयली बुलेट ट्रेन प्रकल्प बांदकाम

सुरू आसा अशें सांगलें. पयलो विभाग सुरू जातलो तो सुरत ते बिलिमोरा आनी उपरांत वापी ते सुरत मेरेनचो विभाग सुरू जातलो अशें तांणी सांगलें.

भारतीय राष्ट्रीय म्हामार्ग प्राधिकरणान फुडल्या म्हयन्याच्या 1 तारखे सावन लागू जावपी सगळ्या नव्या FASTag गाडयां खातीर Know Your Vehicle (KYV) कार्डां बंद करपाची घोशणा केल्या. भौशीक सोयी वाडोवपा खातीर आनी हायवे सक्रिय जाले उपरांत वापरप्यांक जावपी त्रास पयस करपा खातीर हें पावल उबारलां अशें रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्रालयान सांगलां.

घरगुती गिरायकां खातीर देशांतल्या एलपीजीच्या दरांत बदल जावंक ना अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान स्पश्ट केलां. व्यावसायिक एलपीजी सिलिंडरांचे दर 111 रुपया वाडयल्यात अशी म्हायती प्रसार माध्यमांच्या कांय विभागांनी आयल्या उपरांत ही स्पश्टताय आयल्या.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाक लागून भारतान जायत्या देशांक फाटीं घाला अशें केंद्रीय कोळसो खण मंत्री जी. किशन रेड्डी हाणी काल हैदराबादांत घेतिल्ले बस्ती भेटींत उलयतना सांगले. प्रगत देशांक जायत्या समस्यांक तोंड दिवचें पडटा आसतना भारतांत लोकांच्या आदारान शांततायेचें वातावरण मेळ्ळां, उदरगत कार्यावळी सुगमतायेन चालीक लायता अशें मंत्र्यान नदरेक हाडलें. संवसारांतलो विश्वगुरू म्हूण राष्ट्र मुखार व्हरपा खातीर ह्या नव्या वर्सा श्री मोदीचें फुडारपण घटमूट करचें असो उलो तांणी मारला.

मुळावी बांदावळ, कल्याण, शांतताय आनी सुरक्षा, विदेश धोरण, अर्थीक सुदारणा, जीएसटी चालीक लावप ह्या मळार मोदी सरकारान घेतिल्ल्या धोरणां आनी कार्यावळींक लागून लोकांच्या फायद्या खातीर दर उणे जाल्यात अशें तांणी सांगलें. आतंकवादाचेर आळाबंदा हाडला, पाकिस्तानाच्या आयएसआयच्या आदारान दिल्यो धमक्यो घटमूटपणान कुसकुसल्यात अशें तांणी स्पश्ट केलें. हाचे आदीं तांणी वेगवेगळ्या खात्याच्या अधिकाऱ्यांक थंयच्या रहिवाशांचे प्रस्न सोडोवपाक आनी आपूण भेट दिल्ल्या झोपडपट्ट्यांनी आनी बासतीच्या लोकांक नागरी सुविधा दिवपाचे निर्देश दिले.

उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन आयज सावन दोन दिसांच्या तमिळनाडू भेटर आसतले. चेन्नय आनी वेल्लोरांतल्या जायत्या कार्यावळींक ते हाजीर रावतले. उपराष्ट्रपती दीक्षांत सुवाळ्यांत मार्गदर्शन करतले आनी जायत्या विशयांतल्या पदवीधरांक पदवी दितले. उपरांत उपराष्ट्रपती शारांत रामनाथ गोंयका साहित्य सम्मान सुवाळ्याक हाजीर रावपाचे आसात. तशेंच कलाइवनार आरंगम हांगा भौशीक बसकेक हाजीर रावतले आनी चेन्नई लोकभवनांत तमिळनाडूच्या राज्यपालानी आयोजीत केल्ल्या नागरी सुवाळ्याक हाजीर रावतले.

दाट धुक्याक लागून देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी कितल्याशाच गाडयांची येरादारी उणी दिसपाक लागून तातुत आडखळ आयल्या. भारतीय रेल्वेच्या म्हणण्या प्रमाण 31 गाडयो दोन वरां वयर कळाव जातात. प्रवाशांनी गाडयानी चडपा खातीर स्टेशनाचेर पावचे पयलीं तांची ताजी स्थिती पळोवची असो सल्लो दिला.

कृत्रिम बुद्धिमत्ता हे फक्त तंत्रज्ञान न्हय तर देशात सकारात्मक बदल घडोवन हाडपाची संधी आसा अशे राष्ट्रपती भवनात SOAR-Skilling for AI Readiness अंतर्गत आयोजित विशेष कार्यक्रमात राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हणाले. विविध क्षेत्रांत कृत्रिम बुद्धिमत्तेचे महत्त्व वेगान वाडता आणि दर एकल्यान तंत्रज्ञान शिकप गरजेचे जाला अशे ताणी म्हणले Byte

या कार्यक्रमा वेळार, राष्ट्रपतींनी विद्यार्थी आणि संसद सदस्यांसयत विद्यार्थ्यांक AI प्रमाणपत्रां प्रदान केली आणि स्किल द नेशन चॅलेंज नावाच्या राष्ट्रीय जागरूकता मोहिमेची सुरुवात केली. उदेत्या तंत्रज्ञानाविशी जाणून घेतल्याबद्दल आणि त्यांच्या नेतृत्वाच्या भूमिकेत ताचो वापर करून एक उदाहरण मांडल्याबद्दल राष्ट्रपती मुर्मू यांनी संसद सदस्यांचे कौतुक केले.  या आव्हानाचो उद्देश AI विशी जागरूकता वाडोवप आणि आर्थिक स्वावलंबन वाडोवप आसा अशे ताणी म्हळे. बाय्ट

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, पंजाब, हिमाचल प्रदेश आनी चंडीगढ हांचेर दाट ते खूब दाट धुकें पडपाचो अदमास काडला. तशेंच बिहार, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, गिलगित-बाल्तिस्तान आनी मुझफ्फराबाद हांचेर दाट धुकें पडटलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड, अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी राज्यांनी अशीच परिस्थिती आसतली. तशेंच तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल हांचेर गडगड आनी वीज पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.  मजगतीं, दिल्ली-एनसीआरांतल्या हवेचो दर्जो सामकोच वायट वर्गांत नोंद जाला. केंद्रीय प्रदुशण नियंत्रण मंडळाच्या म्हणण्या प्रमाण आयज सकाळीं 7 मेरेन राष्ट्रीय राजधानीचो सरासरी हवेचो दर्जो निर्देशांक 321 जाला.

बेंगळुरू सावन कन्याकुमारी मेरेन सायकलीन येसस्वीपणान वचपा खातीर एस.सुरेश कुमाराच्या उल्लेखनीय कामगिरीची प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी तोखणाय केल्या. हें काम फकत तोखणायेचें आनी प्रेरणादायक न्हय तर श्री कुमार हांच्या खरपणाची आनी अविरत भावनांचिय गवाय आसा अशे सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री हांणी नदरेक हाडलें. अशे यत्न मोट्या प्रमाणांत समाजा खातीर फिटनेस आनी निर्धाराचो म्हत्वाचो संदेश व्हरतात, खास करून भलायकेच्या म्हत्वाच्या आडमेळ्यांचेर मात करून ते साध्य जाला अशें श्री मोदी हांणी भर दिलो.